Date :22/02/2026    खबरो 8.40pm

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी सविता बर्वे तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.

मुखेल खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मेरठांतल्या मेरठ मेट्रो आनी नमो भारत रेल्वेक पाच्वो बावतो दाखयतले .

भारत आनी ब्राझील हाणी वर्स 2030 मेरेन द्विपक्षीय वेपार 30 अब्ज डॉलरामेरेन वाडवपाची मोख दवरला

फाटल्या सात म्हयन्यांच्या काळांत भारताच्या परकी चलन साठ्यांत 8.663 अब्ज डॉलरानी वाड जावन तो 725.727 अब्ज डॉलर इतलो जाला

अमेरिकेच्या सर्वोच्च न्यायालयांण दिल्या शिटकावणी उपरांत लेगीत राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी संवसारीक टैरिफ शुल्क  10 टक्क्यां वयल्यान 15 टक्क्यांमेरेन वाडयला

आयसीसी टी-20 संवसारिक करंड वस्तादपण सर्तींत भारत आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी मैदानार दक्षिण आफ्रिके आड सुपर 8 मोहीम सुरू करतलो

आता पुराय खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मेरठांतल्या शतबदी नगर नमो भारत स्टेशनाचेर मेरठ मेट्रो आनी नमो भारत रेल्वेक पाच्वो बावतो दाखयतले . उपरांत ते वट् 12,हजार 930 कोटी मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचे उक्तावण करतले  आनी काय प्रकल्पां राष्ट्राक समर्पित करतले .

भारत आनी ब्राझील हाणी वर्स 2030 मेरेन द्विपक्षीय वेपार 30 अब्ज डॉलरामेरेन वाडवपाची मोख दवरला. ब्राझीलाचो अध्यक्ष लुईस इनासिओ लुला दा सिल्वा हांच्या भारत भेटी वेळार हो निर्णय घेतला अशें विदेश सचीव पी.कुमारन हांणी पत्रकार

परिशदेंत सांगलें. तेल, वायू आनी नवीकरणीय उर्जा, ब्राझील उपग्रह प्रक्षेपण आनी संयुक्त उपग्रह उत्पादन, जैव इंधन आनी टिकावू विमान इंधन, शेती, पशुधन आनी संवर्धन अश्या वेगवेगळ्या मळार सहकार्याची आस्त दोनूय देशांनी उक्तायला अशें ताणी सांगलें.
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी ब्राझीलाचो अध्यक्ष लुईझ इनासिओ लुला दा सिल्वा हांचे मदीं काल द्विपक्षीय उलोवणी जाली. हे बसकेंत दोनूय फुडाऱ्यांनी द्विपक्षीय संबंदांचो नियाळ घेतलो.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपल्या जोड निवेदनांत राष्ट्राध्यक्ष लुलाच्या फुडारपणाखाल भारत-ब्राझील संबंद घटमुट जाल्यात अशें सांगलां.

Bytes३४ सेक

75

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या ‘मन की बात’ कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले. आकाशवाणीच्या म्हयन्याळ्या मन की बात’ कार्यावळीचो हो  १३१ वो भाग आसा . आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, AIR न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, प्रधानमंत्री कार्यालय आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली.

४९

आसामांत गुवाहाटीच्या लोकप्रिया गोपीनाथ बोरदोलोई आंतरराष्ट्रीय विमानतळावेल्या नवें एकत्रीत टर्मिनलाचे  आयज उक्तावण जातले जेववीं राज्याच्या विमान मुळाव्या साधनसुविधां मदीं  व्हड भर पडटली अशे आसामाच्या मुखेल्मंत्र्यानी म्हणला . ह्या वाठारांत वाडत आशिल्ल्या हवाई येरादारीच्या मुखार एकत्रीत टर्मिनला वरवीं प्रवाशांची हाताळणी तंक खूब वाडटली आनी एकंदर कार्यक्षमताय वाडटली अशी आस्त आसा

फाटल्या सात म्हयन्यांच्या काळांत भारताच्या परकी चलन साठ्यांत 8.663 अब्ज डॉलरानी वाड जावन तो 725.727 अब्ज डॉलर इतलो जाला.भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या म्हणण्या प्रमाण परकी चलन साठ्यांतलो एक मुखेल घटक आशिल्ल्या भांगराच्या साठ्यांत 4.99 अब्ज डॉलर वाड जावन 128.466 अब्ज डॉलर जाला. परकी चलनाची मालमत्ता हो परकी चलन साठ्यांतलो सगळ्यांत व्हडलो घटक आशिल्लो आनी तो 3.550 अब्ज डॉलर वाडून 573.603 अब्ज डॉलर जालो.

८५

नवी दिल्लींत जाल्ल्या इंडिया एआय इम्पॅक्ट परिशदेत धोरण निर्माते, उद्देग फुडारी, नवनिर्माण करपी, आनी स्टार्टअप हांकां विचारांचो आदान-प्रदान करपाक आनी एआय आदारीत उपायांचे प्रदर्शन करपाक एक समान मंच मेळ्ळो. ह्या शिखर सभेंत ५०० वयर एआय फुडारी, १०० वयर संस्थापक आनी मुखेल कार्यकारी अधिकारी , १५० शिक्षणतज्ञ आनी संशोधक आनी सुमार ४०० सीटीओ हाजीर आशिल्ले. ह्या शिखर सभेंत शिकपाची आनी नेटवर्किंगाची मोलादीक संद मेळ्ळी. फुडल्या वर्सांनी इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रगिन्यानांत एआयचो वापर करपाची भारतांत उफाट तांक आसा अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयांतले प्रदर्शक आकाश हांणी सांगलें.

३५

उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन आयज तमिळनाडूक भेट दितले.ह्या भेटी वेळार ते मदुरैच्या वंडीयुरात  थिरूव्ही.ओ. चिदंबरम पिल्लई हांच्या पुतळ्याचो बुन्यादी फातर बस्यतले   उपरांत ते थिरुकोष्टीयुर स्वामी नारायण पेरुमाल देवळाक आनी शिवगंगांतल्या राणी वेलू नचियार राजवाड्याक भेट दितले.

80

उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन हाणी काल  नवी दिल्लींत "अटल बिहारी वाजपेयी: द इटरनल स्टेट्समैन' ह्या पुस्तकाचे विमोचन केलें. हें पुस्तक भारत रत्न अटल बिहारी वाजपेयी हांकां आर्गां ओपता.  हें प्रकाशन फकत फोटोंचो संग्रह न्हय तर अटल बिहारी

वाजपेयीच्या जिविताचो आनी दायजाचो उत्सव आनी राष्ट्राक उर्बा  दिवपाचें काम करता अशें तांणी सांगलें.

90

आसामांत गुवाहाटीच्या लोकप्रिया गोपीनाथ बोरदोलोई आंतरराष्ट्रीय विमानतळावेल्या नवें एकत्रीत टर्मिनलाचे  आयज उक्तावण जातले जेवर्वी राज्याच्या विमान मुळाव्या साधनसुविधां मदीं  व्हड भर पडटली अशे आसामाच्या मुखेल्मंत्र्यानी म्हणला . ह्या वाठारांत वाडत आशिल्ल्या हवाई येरादारीच्या मुखार एकत्रीत टर्मिनला वरवीं प्रवाशांची हाताळणी तंक खूब वाडटली आनी एकंदर कार्यक्षमताय वाडटली अशी आस्त आसा

धुनीक कायदो आनी सुवेवस्थे कडेन तरणाट्यांक जोडपा खातीर हैदराबाद पुलिसांनी एक उपक्रम चालिक लायला . 25 वर्सां सकयल्या पदवी आनी पदव्युत्तर विद्यार्थ्यां खातीर हि इंटर्नशिप कार्यावळ भाग घेवप्यांक डेटा विश्लेशण, संशोधन प्रकल्प आनी समकालीन पुलीसिंग तंत्रांत व्यावहारिक अणभव दिवपाचेरभर दिता . डिजिटल युगांतल्या सुरक्षा प्रणालीं विशीं खोलायेन समजूत विकसीत करतना शिक्षणीक आनी भौशीक सुरक्षे मदलो फरक भरपाचो यत्न करता.

एसएमआयटी सेलाच्या देखरेखी खाला चलपी ही कार्यावळ इंटर्नशिप येसस्वीपणान पुराय करपी सगळ्या विद्यार्थ्यांक अधिकृत मान्यताय प्रमाणपत्र मेळपाची खात्री करता. पात्र आनी इत्सूक उमेदवारांनी खात्याच्या अधिकृत संकेतथळा वरवीं वरवीं ऑनलायन अर्ज करूं येता.

२५

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी काल  केंद्रीय राखीव पुलीस दळाच्या   स्थापणूक दिसाच्या कर्यावलीत वाटो घेतलो.  सीआरपीएफान केल्या मोलादिक वावराची तोख्णाय केली . Bytes२१ सेक

१४५

नौदलाचे मुखेल एडमिरल दिनेश के त्रिपाठी हाणी काल पांचव्या गोंयदर्यावेली परिशदेचे उक्तावण करतना दर्यामळावयल्या सहकार्याच्या महत्त्वचेर भर दिला. ह्यावेळार विशाकापटनमात हालीच जाल्या International Fleet Review and the harbour and sea phases of MILAN विशीची परीशद ही मरीटायम महाकुंभ आसा अशे तांणी म्हळा. ह्या परीशदेतल्यान हिंद म्हासगारात उदभवपी आव्हानाक एकवटान तोंण दिवप सोपे जातले असो विस्वास तांणी व्यक्त केला एका दिसाच्य ह्या परीशदेत १५ देसांच्आ नौदळ धिकार्यांनी वाटो घेतला. हिंद म्हासागरातली आव्हानां तशेंच धोकादायक घडणुको कमी करपाक प्रगतीशील यत्न , ह्या आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर सहकारी यंत्रणा आनीक घटमूट करप ह्या विशयाचेर ह्यावेळार चर्चासत्रां जाली. दर्या मार्गाचो उपेग करुन घुवळी वखदांची येरादारी,मानव तस्करी, सुरक्षाततायेची आव्हाना, बेकायदेशीर नुस्तेमारी,शेजारच्या देशांकडे marintime security च्या मनदरेतल्यान समन्वय, तशेंच हिंद म्हासागर मुखार येवपी आव्हानांचे प्रस्न सुटावे करपाक stratergy planning, तशेंच satellite यंत्रणेचो उपेग, दर्यात घडपी घडामोडींचेर बारिकसाणीन लक्ष दवरपाखातीर नौदळाचो कृतीदळ स्थापन करप तशेंच नौदळाच्या कार्यपद्धतीवीशी मार्गदर्शन करपी विशयाचेर महत्वाची चर्चा जालीं

100

अमेरिकेच्या सर्वोच्च न्यायालयांण दिल्या शिटकावणी उपरांत लेगीत राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी संवसारीक टैरिफ शुल्क 10 टक्क्यां वयल्यान 15 टक्क्यांमरेन वाडयला. आंतरराश्ट्रीय आणीबाणीच्या अर्थीक अधिकार कायद्यान आयातीचेर व्यापक दर लादपाचो अधिकार अध्यक्षाक मेळना असो निकाल न्यायालयान दिलो. ह्या निर्णयाक लागून अब्जांनी डॉलराच्या परतफेड दाव्यांक वाट मेकळी जावंक शकता. न्यायालयाच्या निकाला उपरांत कांय वरां भितर ट्रम्प हाणी पत्रकारां मुखार नव्या टैरिफ शुल्काची घोशणा केली . कायदेशीर आव्हान आसून लेगीत ह्या निर्णयाक लागून अमेरिकन वेपार धोरणाक नव्यान आकार दिवपाचे यत्न मंद जावचे नात अशें ट्रम्प हांणी सांगलें. आतां येणावळ मेळोवपाक आनी आपली अर्थीक रणनिती मुखार व्हरपाक आपले कडेन चड घट पर्याय आसात अशे ताणी मुखे सांगले .

हवामान

भारत हवामान खात्यान आयज केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी दक्षिण कर्नाटकात गडगड, आनी वादळी वारें वांगडा व्हड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला तशेच फुडल्या 7 दिसांत देशाच्या मध्य आनी वायव्य वाठारांत चडांत चड तापमान ल्हव ल्हव 2 ते 3 अंश सेल्सियस वाडटलें असो अदमास उक्तायला .

स्पोर्ट्स ४०

आयसीसी टी-20 संवसारिक करंड वस्तादपण सर्तींत भारत आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी मैदानार दक्षिण आफ्रिके आड सुपर 8 मोहीम सुरू करतलो.

परतून एक फावट काय मुखेल खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मेरठांतल्या मेरठ मेट्रो आनी नमो भारत रेल्वेक पाच्वो बावतो दाखयतले .

भारत आनी ब्राझील हाणी वर्स 2030 मेरेन द्विपक्षीय वेपार 30 अब्ज डॉलरामेरेन वाडवपाची मोख दवरला

फाटल्या सात म्हयन्यांच्या काळांत भारताच्या परकी चलन साठ्यांत 8.663 अब्ज डॉलरानी वाड जावन तो 725.727 अब्ज डॉलर इतलो जाला

अमेरिकेच्या सर्वोच्च न्यायालयांण दिल्या शिटकावणी उपरांत लेगीत राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी संवसारीक टैरिफ शुल्क 10 टक्क्यां वयल्यान 15 टक्क्यांमेरेन वाडयला

आयसीसी टी-20 संवसारिक करंड वस्तादपण सर्तींत भारत आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी मैदानार दक्षिण आफ्रिके आड सुपर 8 मोहीम सुरू करतलो

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे फुडले खब्रापत्र तुमका आयकुक मेळटले सांजे साडेस वरांचेर नमस्कार